# लोकोत्सवात हस्तकला कारागिरी, अन्न पदार्थ स्टॉल घालपाखातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 22 डिसेंबर 2025

कला आनी संस्कृती संचालनालय, पश्चिम विभाग सांस्कृतिक केंद्र, उदयपूर हांच्या जोड पालवान दर्या संगम, कला अकादमी, कांपाल हांगा वर्सुकीं राष्ट्रीय लोकोत्सव “लोकोत्सव 2026” चे आयोजन करतले.

देशांतल्या विंगड विंगड राज्यांतले सुमार 500 परफॉर्मिंग कलाकांर ह्या महोत्सवात वाटो घेवन आपल्या राज्यांतली लोकनाच, लोकसंगीत आनी हेर कला सादर करतले. लोकोत्सवाच्या काळांत गोंयासयत विंगड विंगड राज्यांतले मेळून 600 परस चड कारांगीर हस्तकला वस्तूंचे आनी खाद्य पदार्थ प्रदर्शन आनी विक्री करपाचे स्टॉल्स घालतले.

लोकोत्सवात आपलो स्टॉल घालपाखातीर कार्ड/परवानो आशिल्लें हस्तकला, हातमाग, पारंपारिक दागिने आनी हेर उत्पादनां तयार करपी गोंयांतले हस्तकला कारांगीर आनी खावपा जीन्नस उत्पादन आनी विक्री करपी व्यक्तिंकडल्यान विहित नमुन्यात अर्ज मागयल्यात.

सगळ्या स्टॉलांखातीर शुल्क लागू आसतले. हस्तकला आनी पॅक्ड फूडाचे स्टॉल शेअरिंग तत्त्वाचेरय आसतले (दोन मनशांखातीर) आनी ते प्रमाण शुल्क वाटून घेवपाक मेळटले. शुल्क डेबिट कार्ड वा UPI वरवीं स्टॉल वाटपावेळार भरचे पडटले. अर्ज 10/- रूपया फारीक करून कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन, पाटो पणजी हांगा 23 आनी 24 डिसेंबर मेरेन पयली येवप्यांक पयली ह्या तत्त्वाचेर सकाळी 10.00 ते सांजेची 5.00 वरांमेरेन उपलब्ध आसतले. पुराय भरिल्लें अर्ज 29 डिसेंबर 2025 मेरेन खात्याच्या कार्यालयात सुपुर्द करपाक जाय. हे अर्ज फकत गोंयच्या हस्तकला कारागीर, पॅक केल्ले खावपाचे जीन्नस स्टॉलाखातीर आसात. वळखपत्र तपासून एका विक्रेत्याक फकत एकूच अर्ज दितले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/975

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.